गोंय लोक सेवा आयोग

ईडीसी हावस ब्लॉक ,'सी',लो मजलो1, दादा वैद्य रोड– गोंय ,पणजी , 403001.

संकेतथळः http://gpsc.goa.gov.in

**जायरात क्रमांक 09, वर्स 2018**

सकयल दिल्ल्या पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात. अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 28.09. 2018 आसा. ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो "सुचोवण्यो" जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां, भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार आनी वरिश्ठ तंत्रिकी विज्ञानीक पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार , गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारसीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशें ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार, "सुचोवण्यांनी" नमुद केल्ल्या प्रमाणें मुलाखतीक आपोवंक, आयोग उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

## I. गोंय वैजकी म्हाविद्यालय

**1. अस्थिरोग चिकित्सेंत व्याख्या तो (Lecturer in Orthopaedic Surgery).....1 पद (दुसरे फावटी)**

**वेतन श्रेणी:** रू.15,600-39,100+6600/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 1 1 प्रमाणें) **पिराय-** 45 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i) भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसर्यासपरिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 च्या कलम 1 3(3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii) संबंदीत खासा

विशेशतायेंत वा तत्सम हातूंतल्यान पदव्युत्तर पदवी . (iii) आवश्यक पदव्युत्तर पदवेची पात्रताय मेळयल्या उपरांत वैजकी महाविद्यालय / शिक्षणीक संस्थेंत वरिश्ठ निवासी दोतोर/ निबंधक / अनुशिक्षक (Tutor)/ निदर्शक (Demonstrator) म्हूण संबंदीत विशेशतायेंत उण्यांत उणो तीन वर्सांचो अणभव आसूंक जाय. (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:**– मराठीचें गिन्यान.

## II. <u>नुस्तें वेवसाय संचालनालय</u>

**2. नुस्तें वेवसाय अधिक्षक...... 1 पद (हेर मागास वर्गियां खातीर आरक्षीत)**

**वेतन श्रेणीः रू .** 9,300-34,800 + 4,600/ -(पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 7 प्रमाणें) **पिराय-** 45 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः**

**आवश्यकः** (i) मस्त्य विज्ञानांत मास्टर वा मस्त्य विज्ञानांत बॅचलर वा मस्त्य पदव्युत्तर पदविका, तशें नासल्यार, सागरी विज्ञान /प्राणीशास्त्र/ सागरी जीवशास्त्र हातूंत मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान मास्टर पदवी. (ii) समुद्री/अंतरर्देशीय मस्त्यपालन /मस्त्यपालन संशोधनांत/संबंदीत क्षेत्रांत 3 वर्सांचो अणभव (iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय .

**ऐच्छिक:**– मराठीचें गिन्यान.